Panaji National 4th April 2025 8.40am

- पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या फाटभुयेर नवी दिल्लीन पाकिस्तानी जहाजां, वेपार, टपाल सेवांचेर बंदी घाल्या.

- राष्ट्रीय चाचणी संस्था, NTA आज देशांत तशेच परदेशांतल्या काय शारांनी NEET (UG) २०२५ आयोजित करतली.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी न्याय प्रदान करपाक आणि सामाजिक प्रगतीक गती दिवपाक मध्यस्थीच्या भूमिकेचेर भर दिला.

- पयली संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिशद (WAVES) 2025 हाजे आयज मुंबयंत समारोप जाता.

- खेळो इंडिया युथ गेम्स 2025 आयज बिहारांत सुरू जातली.

PAKISTAN SHIP IMPORT BAN - 160

भारतान हालींच पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याच्या फाटभुयेर पाकिस्तानी जहाजांक भारतीय बंदरांचेर प्रवेश करपाचेर बंदी घाल्या. तशेंच भारतीय जहाजांक पाकिस्तानी बंदरांक भेट दिवपाक बंदी घाल्या. पाकिस्तानाचो ध्वज आशिल्ल्या खंयच्याय जहाजाक खंयच्याच भारतीय बंदराक भेट दिवपाक मेळची ना अशें जहाज येरादारी महासंचालनालयान निवेदनांत म्हणलां. तशेंच भारतीय ध्वज आशिलली जहाजां पाकिस्तानाच्या खंयच्याच बंदराक भेट दिवचीं

नात अशेंय तातूंत म्हणलां. महासंचालनालयान म्हळां की हे निर्बंध तात्काळ प्रभावान आणि फुडले आदेशापर्यंत लागू केल्यात.

भारतीय मालमत्ता, माल आनी संबंदीत पायाभूत सुविधांची सुरक्षा सुनिश्चित करपाखातीर आणि सार्वजनिक आणि नौवहन क्षेत्राच्या हिताखातीर हो निर्णय घेतला.

भारतान पाकिस्तानातल्यान येवपी सगळ्या वस्तूंच्या प्रत्यक्ष किंवा अप्रत्यक्ष आयातीचेर तात्काळ बंदी घाली. राष्ट्रीय सुरक्षा आणि सार्वजनिक धोरणाच्या हिताखातीर ही बंदी घाल्या. या निर्बंधातल्या कसल्याय अपवादा खातीर सरकारची मान्यता गरजेची आसतली. तशेंच भारतान पाकिस्तानांत वचपी आनी सगळ्यो टपाल सेवा बंद केल्यात. हाचे आदीं लेगीत भारतान पाकिस्ताना आड जायतीं पावलां उबारल्यांत. तातूंत सिंधू उदका कबलात स्थगीत करप, अटारी शिमो बंद करप, पाकिस्तानी नागरिकांक भायर काडप, राजनयिक कर्मचाऱ्यांचो आंकडो उणो करप हांचो आस्पाव जाता.

**LOC-FIRING – 45**

जम्मू-काश्मीरांत नियंत्रण रेशेचेर काल रातीं पाकिस्तानी सैन्यान केल्ल्या फारपेटीक भारतीय सैन्यान चोख जाप दिल्या. जम्मू-काश्मीरांतल्या कुपवाड़ा, बारामुल्ला, पुंछ, राजौरी, मेंढर, नोवशेरा, सुंदरबनी आनी अखनूर वाठारांनी नियंत्रण रेशेचेर पाकिस्तानी सैन्यान बेछूट फारपेट केली आणि भारतीय सैन्यान ताका रोखडोच आणि प्रमाणबद्ध प्रत्युत्तर दिले अशें संरक्षण सुत्रांनी सांगलें.

PM- OMAR ABDULLAH – 50

जम्मू-काश्मीराचे मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला हांणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेतली. फाटल्या म्हयन्यांत पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत अब्दुल्ला हांची प्रधानमंत्री मोदी हांचे कडेन जाल्ली ही पयली भेट. की, हे बसकेंत पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या सयत जायत्या विशयांचेर चर्चा जाली अशे, जम्मू-काश्मीर नेशनल कॉन्फ्रेंसन सोशल मिडियाचेर केलल्या पोस्टांत सांगलां.

NEET – 60

राष्ट्रीय चाचणी संस्था, NTA आज देशांतल्या पांच हजारां वयर केंद्रांनी आनी परदेशांतल्या 13 शारांनी राष्ट्रीय पात्रता-सह-प्रवेश परीक्षा- NEET (UG) २०२५ आयोजित करतली. परीक्षेचे सुरक्षित आयोजन करपाखातीर सगळी तयारी आणि लॉजिस्टिक व्यवस्था केल्या अशें एनटीएन निवेदनांत म्हणलां. दनपारां 2 ते 5 मेरेन जावपी हे परिक्षे खातीर 22.7 लाखां वयर उमेदवारांनी नोंदणी केल्या. काल सगल्या केंद्रांचेर मॉक ड्रिल यशस्वीरित्या जाली.

PRESIDENT-MEDIATION - 150

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मध्यस्थी कायद्याअंतर्गत वाद निवारण यंत्रणा ग्रामीण भागात प्रभावीपनात वाडोवची जाका लागून पंचायतीं खेड्यांतल्या संघर्षांत मध्यस्थी करपाखातीर आणि तांचे निराकरण करपाखातीर कायदेशीररित्या अधिकार मेळटलो हाजेर भर दिला. खेड्यानी समाजीक समरसताय ही राष्ट्र घटमूट करपा खातीर गरजेची पूर्वअट अशें तांणी सांगलें. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू काल भारत मंडपमात भारतीय मध्यस्थी संघाची सुरवात

आनी पयल्या राष्ट्रीय मध्यस्थी परिषद 2025 उक्तावण वेळार उलयताल्यो. मध्यस्थी हो न्यायदानाचो एक गरजेचो भाग आसा, जो भारतीय संविधानाच्या - आपल्या मूळ ग्रंथाच्या केंद्रस्थानी आसा अशे तांणी म्हळें. मध्यस्थी फक्त विचाराधीन विशिष्ट प्रकरणातच न्हय तर हेर प्रकरणांतुय व्हड संख्येन खटल्यांचो न्यायालयां वेलो भार उणो करून न्यायदानाक गती दिवपाक शकता. हाका लागून एकंदर न्यायवेवस्था चड कार्यक्षम जावंक शकता अशे तांणी मुखार म्हळें.

ह्या वेळार उलयतना भारताचे सरन्यायाधीश न्यायमूर्ती संजीव खन्ना हांणी सांगलें, फाटल्या दोन दशकांत वाद सोडोवपाक मध्यस्थीचो म्हत्वाचो वांटो आसा. 2016 ते 2025 वर्साचे सुरवेक सात लाख 57 हजारां वयर केशी मध्यस्थी वरवीं निकालात काडल्यात अशी म्हायती तांणी दिली.

Waves – 80

पयली संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिशद (WAVES) 2025 हाजे आयज मुंबयंत समारोप जाता. आज निमाण्या दिसा फिल्म निर्मितीचेर मास्टर क्लास आनी सांस्कृतीक कार्यावळीं हें मुखेल आकर्शण आसतलें. चार दिसांच्या हे परिशदेचें उक्तावण बिरेस्तारा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलें. 'कनेक्टिंग क्रिएटर्स, कनेक्टिंग कंट्रीज' या टॅगलाइन संयत जावपी हि शिखर परिषद भारताक मीडिया, मनोरंजन आणि डिजिटल नवोपक्रमा खातीर जागतिक केंद्र म्हणून स्थान दिवपाक सज्ज आसा. ९० वयर देशांतल्या धा हजारां परस चड प्रतिनिधींनी ह्या काय्यक्रमांत वांटो घेतला.

Pune railway – 100

पुणे ह्या इतिहासीक आनी उद्देगीक दृष्ट्या महत्वाचे आशिल्लें शारांत रेल्वे स्टेशनाचें व्यापक रुपांतर जावपाचें आसा अशें केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णवा हाणी काल जाहीर केलां. ह्या पुनर्विकासांत चार नवे प्लॅटफॉर्म बांदप आनी संवसारीक पांवड्यावेली डिजिटल मुळावी बांदावळ स्थापन करपाचो आसपाव आसतलो. मंत्री हांणी काल पुण्यांतल्यान दोन नव्या रेल्वे सेवांचें उक्तावण केलें - हडपसर-जोधपूर एक्सप्रेस आनी एमजीआर चेन्नई सेंट्रल-भगत की कोठी एक्सप्रेस. पुणे, हडपसर, खडकी, शिवाजीनगर, उरुळी कांचन आणि आळंदी ह्या स स्थानकांच्या विकासाचो मास्टर प्लॅन निमाण्या पांवड्यार आसा अशें मंत्री वैष्णव हाणी सांगलें. तशेंच पुणे-नागपूर वंदे भारत एक्सप्रेस सुरू करपा संबंदी महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांचे कडेन सकारात्मक चर्चा जाल्ल्याचे तांणी सांगले.

RAILWAYS CHARDHAM YATRA -85

भारतीय रेल्वेन चार धाम यात्रा खातीर भारत गौरव डिलक्स ट्रेन सुरू केल्या. ही ट्रेन बद्रीनाथ, जोशीमठ, ऋषिकेश, पुरी, कोणार्क, रामेश्वरम, द्वारका यासारख्या धार्मिक स्थळांसयत काशी विश्वनाथ, भीमशंकर, त्र्यंबकेश्वर यासारख्या हेर धार्मिक स्थळांत ल्यान पासार जातली. ही गाडी वट्ट 8 हजार 425 किलोमीटर अंतराचेर वचतली. ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखेक दिल्लीच्या सफदरजंग रेल्वे स्टेशना वयल्यान ही खाशेली गाडी सुटतली आनी 17 दिसांनी देशांतल्या चारूय धामांक आनी हेर धर्मीक थळांक भेट दितली अशी म्हायती आमच्या प्रतिनिधीन दिल्या. गाडयेची तिकीट पयली येवप्याक प्राधान्य ह्या तत्वाचेर दितात जी IRCTC संकेतथळार बुक करूं येता.

Amit shah – 150

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी नवी दिल्लीत राष्ट्रीय सहकारी निर्यात लिमिटेड, एनसीईएल, राष्ट्रीय सहकारी ऑरगॅनिक्स लिमिटेड, एनसीओएल आणि भारतीय बीज सहकारी समिती लिमिटेड, बीबीएसएल हांच्या प्रगतीचो नियाळ घेवपाखातीर एका उंचेल्या पावड्यावेल्या नियाळ बसकेची येजमानकी चलयली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला सहकारी निर्यात, सेंद्रीय उत्पादन, आनी दर्जेदार बियाणांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर एकत्रित संघटना म्हणून काम करपाच्या हेतान 2023 वर्सा ह्यो तीन राष्ट्रीय सहकारी संस्था स्थापन केल्ल्यो अशें शाह हाणी बसकेत सांगलें. हे उपक्रम 'संपूर्ण सरकार' पद्दती खाला, संबंदीत मंत्रालयां, खातें, आनी एजन्सी हांच्या सहकार्यान चलतात हाचेर तांणी भर दिलो. गृहमंत्र्यानि NCEL खातीर दोन लाख कोटी रुपयांची निर्यात करपाचें महत्वाकांक्षी लक्ष्य थारायलें, तातूंत सध्या भारतांतल्यान निर्यात जावंक नाशिल्ल्या तीन नव्या आनी विशिश्ट उत्पादनांचेर लक्ष केंद्रीत केलें. सहकारी संस्थांनी केल्ली सगळी निर्यात एनसीईला वरवीं करची, जाका लागून वीस ते तीस हजार कोटी रुपयांची उलाढाल जातली आनी कर आनी ऑपरेटिंग खर्च उपरांतचो निव्वळ फायदो सहकारी संस्थांक परत मेळटलो अशें निर्देश तांणी दिले.

IMD – 40

भारतिय हवामान खात्यान आयज ओडिशात उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान आयज बिहार, झारखंड, ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत आनी मंगळारा मेरेन मध्य प्रदेश, विदर्भा आनी छत्तीसगडांत गडगड, जोगला मारून आनी वादळी वाऱ्या संयत मध्यम पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

Khelo India – 80

खेळो इंडिया युथ गेम्स आयज सांजवेळार बिहाराची राजधानी पाटना शारांतल्या पाटलीपुत्र खेळां संकुलांत भव्य सुवाळ्यान सुरू जातली. मुख्यमंत्री नितीश कुमार आणि केंद्रीय खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय ताचें उक्तावण करतले. 5 मे मेरेन चलपी ह्या खेळांत 18 वर्सां सकयल्या 8,500 परस चड तरणाटे प्रतिभावां २४०० परस चड पदकां खातीर खेळटले. आकाशवाणी खेळो इंडिया युथ गेम्स 2025 च्या उक्तावण सुवाळ्याचे धावते वर्णन प्रसारित करतली. कार्यक्रम सांजवेळा 5:55 सावन सुरू जातलो आनी सांजवेळा 7:30 मेरेन वा सुवाळो सोपं मेरेन चालू आसतलो.

IPL –

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं जाल्ल्या खेळांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून चेन्नई सुपर किंग्साक दोन धांवड्यांनी हारयलो.